Panaji National 26th October 2026 0840

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाची बँकिंग व्यवस्था आर्थिक युद्ध आनी सायबर दहशतवाद्यांपासून सुरक्षित दवरपाचेर भर दिला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां, 'व्होकल फॉर लोकल' चळवळ भारतीय उत्पादनांक संवसारीक बाजारांत पावपाक मजत करता.
- बाराव्या ब्रिक्स संसदीय मंचाची सुरवात आयज नवी दिल्लींत जातली.
- महिला क्रिकेटांत, भारतान काल दुसऱ्या एकदिसा आंतरराष्ट्रीय खेळांत झिम्बाब्वेचेर १२१ धांवड्यांनी जैत मेळोवन तीन खेळांच्या माळेत २-० अशी जैतिवंत आघाडी घेतली.

PM Odisha –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाची बँकिंग व्यवस्था आर्थिक युद्ध आनी सायबर दहशतवाद्यांपासून सुरक्षित दवरपाचेर भर दिला. प्रधानमंत्र्यांनी काल सांजवेळार भुवनेश्वर लागीं जटणीच्या इन्फो व्हॅली-२ हांगा भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या नव्या डेटा सेंटराचें आनी सायबर सुरक्षा प्रशिक्षण संस्थेचें उद्घाटन केलें. सुरक्षित बँकिंग व्यवस्था सुनिश्चित करपाखातीर डिजिटल पायाभूत सुविधा आनी सायबर सुरक्षा यंत्रणा आनीक बळकट करपाची गरज आसा, हाचेर मोदी हांणी भर दिलो. Byte

नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, भारत जगांतल्या सगळ्यांत कुशल बँकिंग क्षेत्रांपैकी एक जाला आनी आतां लोकांक चोवीस वरा बँकिंग सेवा मेळटा. सरकारा खातीर उदरगत म्हणल्यार पुराय देशांत समतोल प्रगती सुनिश्चीत करप अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हळें.

ह्या वेळार उलयतना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें, आरबीआयची नवी सुविधा म्हत्वाच्या अर्थीक मुळाव्या साधनांक आदार दितली. Byte

PM Varanasi –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल वाराणसींतल्या नमो घाटाचेर आयोजीत केल्ल्या ‘विंग्ज ओव्हर गंगा’ ह्या भव्य हवाई प्रदर्शनाच्या तिसऱ्या आनी निमाण्या दिसाच्या कार्यक्रमांत मुखेल सोयरे म्हूण वांटो घेतलो. भारतीय वायुसेनेच्या ९४व्या वर्धापनदिसाचो उत्सव मनोवपाखातीर ह्या कार्यक्रमाचें आयोजन केल्लें. ह्या कार्यक्रमाक उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हेय उपस्थित आशिल्ले.त्या पयली, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल वाराणसींत कापड उत्पादन करपाच्या नव्या कारखान्याचें उद्घाटन केलें.

PM MKB –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां, ‘व्होकल फॉर लोकल’ चळवळ भारतीय उत्पादनांक संवसारीक बाजारांत पावपाक मजत करता. सणांच्या वेळार लोक स्वदेशी उत्पादनांक चडांत चड प्राधान्य दितात, जाका लागून भारतीय वस्तू संवसारभर बाजारांत पावपाक मदत जाता अशें तांणी स्पश्ट केलें. ते काल आकाशवाणीवेल्या मन कि बात कार्यावळींत उलयताले.Byte

ई-संजीवनी येवजणे विशीं उलयतना, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी समाधान उक्तायले की, लोकांचें जीवन सोंपें करपाखातीर ह्या व्यासपीठाच्या माध्यमांतल्यान आतां मेरेन सुमार ५० कोटी टेली-कन्सल्टेशन दिवपाची प्रक्रिया पूर्ण जाल्या. Byte –

VP –

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयच्यान आंध्र प्रदेशाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार, उपराष्ट्रपती विजयवाड्यांत NTR University of Health Sciencesच्या ४०व्या वर्धापनदिसाच्या सुवाळ्यांत मुखेल सोयरे म्हूण वांटो घेतले. उपरांत, ते तिरुपतीत श्री वेंकटेश्वर स्वामी देवळांत आनी तिरुचानूरॅट श्री पद्मावती अम्मावारी देवळांत देवदर्शन घेवन प्रार्थना करतले.

BRICS PARLIAMENTARY FORUM -
बाराव्या ब्रिक्स संसदीय मंचाची सुरवात आयज नवी दिल्लींत जातली. दोन दिसांच्या ह्या कार्यक्रमाचो विशय - "लोककेंद्रीत विकासाखातीर संसदीय संस्थांक बळकट करप" असो आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या कार्यक्रमांत वांटो घेतले आनी भेट दिवपी शिश्टमंडळांच्या फुडाऱ्यांची भेट घेतले. लोकसभा अध्यक्ष आनी बाराव्या ब्रिक्स संसदीय मंचाचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हे कार्यवाहीचे अध्यक्षपद सांबाळटले आनी द्विपक्षीय बसकांनी भेट दिवपी प्रतिनिधी मंडळांच्या फुडाऱ्यां कडेन चर्चा करतले. ह्या कार्यक्रमाखातीर BRICS च्या इकरा सदस्य देशांक आनी १० भागीदार देशांक आमंत्रित केलां. १२व्या BRICS संसदीय मंचाचो उद्देश लवचीकता, नवकल्पना, सहकार्य आनी शाश्वतता ह्या संकल्पनांचेर आदारीत संवादाक प्रोत्साहन दिवप हो आसा.

Goyal –
वाणिज्य आनी उद्योग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें, भारत २०४७ मेरेन आपल्या बंदरांची क्षमता चार पटीन वाडयतलो. आर्थिक विकासाक आनी वाडत्या आंतरराष्ट्रीय व्यापाराक चालना दिवप हो हाचो हेतू आसा. नेदरलँड्सच्या भेटी वेळार रॉटरडॅम हांगा उलयतना गोयल हांणी सांगलें की, भारतान फाटल्या धा वर्सांनी बंदरांची क्षमता दुप्पट केल्या आनी फुडल्या दोन दशकांनी ती चार पटीन वाडोवपाचें उद्दिष्ट दवरलां . byte

Brazil –
ब्राझीलांत डाव्या विचारसरणीचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हाणी सामक्या चुरशीच्या लढतीत उजव्या विचारसरणीचे सिनेटर फ्लाव्हिओ बोल्सोनारो हाका हारयलो.ह्या जैताक लागून लुला आधुनीक ब्राझीलाच्या इतिहासांत पयल्या फेरयेंत फाटीं पडून दुसरे फेरयेंत जैत मेळोवपी पयलो राजकारणी जाला.

Cricket –
महिला क्रिकेटांत, भारतानं काल रातीं वडोदरात जाल्ल्या दुसऱ्या एकदिसा आंतरराष्ट्रीय (ODI) खेळांत झिम्बाब्वेचेर १२१ धांवड्यांनी जैत मेळयलें. ह्या जैतासयत भारतानं तीन खेळांच्या मालिकेंत २-० अशी जैतिवंत आघाडी घेतली. ३२९ धांवड्यांचें लक्ष्य गाठपाच्या प्रयत्नांत झिम्बाब्वेचो पंगड ४८.५ षटकांनी २०७ धांवड्यो करून ऑलआऊट

जालो. तिसरो आनी निमाणो एकदिसाचो आंतरराष्ट्रीय खेळ बुधवारा ह्याच सुवातेर जातलो. हरमनप्रीत कौराक 'प्लेअर ऑफ द मॅच' म्हणून घोशित केले.

IMD –
बंगालच्या खाडींतलो खोल उण्या दाबाच्या क्षेत्र आयज आनीक खर जावन ताचे रूपांतर चक्रीवादळांत जातले अशें हवामान खात्यान सांगलां. आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना आयएमडीचे महासंचालक डॉ मृत्युंजय मोहपात्रा हांणी सांगलें,......Byte
हवामान खात्यानं आयज केरळ, माहे, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी आनी कराईकल ह्या भागांनी दाट उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.